पणजी national 29.12.2025 at 8.40 am

मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी गोय तशेच कारवाराक नौदल तळाक भेट दिली. आज राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्था (एनआयटी) जमशेदपूराच्या पंदराव्या दीक्षांत सुवाल्याक हाजीर रावपाची आसात.
- उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आज पुद्दुचेरीत एक दिसाच्या दौऱ्यार वतले
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी राज्यांक उत्पादनाक प्रोत्साहन दिवपाचे, 'व्यवसाय सुलभतेक' चालना दिवपाचे आणि भारताक जागतिक सेवा क्षेत्रात दिग्गज करपाचे आवाहन केला.
- बायलांच्या क्रिकेटांत तिरुवनंतपुरमांत जाल्ल्या चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकेक 30 धांवड्यांनी हारयले आनी पांच मॅचींच्या मालिकेंत भारतान 4-0 अशी आघाडी घेतली

राष्ट्रपती 120

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी कारवारा नौदळाच्या तळाचेर भारतीय नौदळाच्या कलवरी बनावटीच्या ins वग्शीर पाणबुडीतल्यान नौदळाचे मुखेली ॲडमीरल दिनेश त्रिपाटी हांचे सयत सफर केली.हाचे पयली आदले राष्ट्रपती एपीजे अब्दुल कलाम हांणी नौदळ तळाचेर पाणबुडीतल्यान सफर केल्ली. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मु हांचे शेनवारा गोंयांत आगमन जाले. आयतारा सकाळी आयएनएस हंसा तळाचेर तानी नौदळाच्या जवानां कडल्यान मान/वंदना स्वीकारली

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्था (nit) जमशेदपूराच्या पंदराव्या दीक्षांत सुवाल्याक हाजीर रावपाची आसात. ह्या दोनूय कार्यावळींक हाजीर रावपा खातीर राष्ट्रपती आयज रांचीच्यान खाशेल्या हेलिकॉप्टरांतल्यान जमशेदपूराक वतली. तशेच ओल चिकी लिपीचो निर्मातो पंडित रघुनाथ मुर्मू हांकां ती श्रद्धांजली

ओपतली. फाल्यां राष्ट्रापती  मुर्मू गुमलाक वचून आंतर/राज्यीय जनसंस्कृतिक समागम समारोह-कार्तिक जत्रा - एक आंतर/राज्यीय लोक सांस्कृतिक मेळावयात उलोवप करतली .

राधाकृष्णन 90

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आज पुद्दुचेरीत एक दिसाच्या दौऱ्यार वतले. उपराष्ट्रपती स्मार्ट सिटी मिशन अंतर्गत एका गृहनिर्माण प्रकल्पाचो शुभारंभ करतले आणि पुद्दुचेरीत कंबन कलैया/रंगम हांगा लाभार्थ्यांक पाच सद/निकांच्यो चावयो सुपूर्द करतले. उपरांत ते ईश्वरन कोइल स्ट्रीट वेल्या भारतीय स्मारकात महा/कवी सुब्रमण्यम भारतीय हांच्या पुतळ्याचे अनावरण करतले. उपराष्ट्रपती कुमारगु/रु पल्लम हांगा स्मार्ट सिटीज मिशन गृहनिर्माण प्रकल्पाच्या लाभार्थ्यांकडे संवाद साधतले आणि मूलकुलम हांगा पेटिट सेमिनार स्कूलच्या वरिष्ठ माध्यमिक ब्लॉकचे उक्तावण करतले. दनपारा, ते कलापेट हांगा पॉंडिचेरी विद्यापीठाच्या ३० व्या दीक्षांत समारंभाचे अध्यक्ष स्थानार आसतले आणि त्या उपरांत पुद्दुचेरी विमानतळा वेल्यान तिरुवनंतपुरमात वेगवेगळ्या कार्यक्रमांक उपस्थित रावपाक वतले

मोदी 120

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी राज्यांक उत्पादनाक प्रोत्साहन दिवपाचे, 'व्यवसाय सुलभतेक' चालना दिवपाचे आणि भारताक जागतिक सेवा क्षेत्रात दिग्गज करपाचे आवाहन केला.  भारत रोखडोच राष्ट्रीय उत्पादन अभियान (nmm) सुरू करतलो आणि प्रत्येक राज्यान हाका सर्वोच्च प्राधान्य दिवंक जाय  आणि जागतिक कंपन्यांक आकर्षित करपाक मुळव्यो सुविधा निर्माण करपाक जाय अशे मोदी हांणी म्हनला.  नवी दिल्ली जाल्या पाचव्या राष्ट्रीय मुख्य सचिव परिषदेत ते उलयताले . परिशदेचो समारोप काल जालो. या महिन्याच्या २६ तारखेक 'विकसित भारता

खातीर मानवी भांडवल' या थीमचेर तीन दिसान्च्या परिषदेक सुरुवात झाली. भारताच्या लोक संख्या शास्त्रीय फायद्यार उजवाड घालताना मोदी हाणी सांगले की, जवळजवळ सत्तर टक्के लोकसंख्या काम करपी वयोगटातली आसा, जी एक अद्वितीय ईतिहासिक संधी निर्माण करता जी आर्थिक प्रगतीसयत एकत्रित केली तर भारताच्या विकसित भारताच्या प्रवासाक लक्षणीयरीत्या गती दिवंक शकता

रेल्वे 90

रेल्वे मंत्रालयान सांगला की, लक्ष केंद्रित प्रयत्न, नवोन्मेष आणि स्वदेशीकरणान भारतीय रेल्वे जागतिक दर्जाच्या नेटवर्कात रूपांतरित जाता. अमृत भारत गाड्यां वरवी नॉन-एसी प्रवाशांक आरामदायी प्रवासाची सुविधा दिल्या उपरांत, भारतीय रेल्वे रोखडीच एसी क्लास प्रवाशांक पयली वंदे भारत स्लीपर कार्यान्वित करपाक सज्ज आसा. मंत्रालयान सांगले की, या महिन्याच्या २६ तारखे मेरेन , भारतीय रेल्वे नेटवर्कमदी एकूण एकशे चवसष्ट वंदे भारत ट्रेन सेवा सुरू आसात. मंत्रालयान म्हणला की, या वर्सा प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी बेचाळीस प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित केले, १३ प्रकल्पांचे उद्घाटन केले आणि २५ हजार कोटी रुपयांपेक्षा चड किमतीच्या २१ प्रकल्पांची पायाभरणी केली.

मनजिंदर 60

दिल्ली सरकार शारातला प्रदूषणाचो फुड़ो करपाक आयआयटी कानपूरा वांगडा एआय-आधारित, डेटा-चालित प्रणालीर सहयोग करपाची शक्यता सोदता अशे दिल्लीचे पर्यावरण मंत्री मनजिंदर सिंग सिरसा हाणी सांगले. या सहकार्याचे उद्दिष्ट सूक्ष्म पातळीर प्रदूषणाचे स्रोत वळखप,त्यांच्या प्रभावाचे वैज्ञानिक दृष्ट्या मूल्यांकन करप आसा अशे ताणी सांगले. या उपक्रमातल्यान अशी प्रणाली विकसित करतले जी सतत कारवाईचे निरीक्षण, विश्लेषण, अंदाज आणि मार्गदर्शन करू शकतली अशे ताणी सांगले.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात

आता मुखवेलयो खबरो

मन की बात 220

अंदू भारतान राष्ट्रीय सुरक्षा सावन खेळां, विज्ञान प्रयोगशाळा ते संवसारांतल्या व्हडल्या माचये  मेरेन सगळेकडेन बळिश्ट छाप सोडल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. आकाशवाणीचेर केल्ल्या मन की बात कार्यावळींत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी 2025 वर्सा जाल्या घडनुकाचो नियाळ  घेतना  दरेका भारतीयाक अभिमान बाळ/गपाक जायते खीण आयले अशे म्हणले. ‘ऑपरेशन सिंदूर’ हें ह्या वर्सा दरेका भारतीयाचे  अभिमानाचें प्रतीक जालें अशें तांणी सांगलें. आयचो भारत आपले सुरक्षेचेर तडजोड करीना हें संवसाराक स्पश्टपणान दिसून आयलें अशें तांणी सांगलें. **byte**

वंदे मातरमाच्या देडशाव्या वर्धापन दिसा खातीर लोकांनी हीच भावना आनी उमेद दाखयल्ली हाची मोदी हांणी तोखणाय केली.तांणी लोकांक आपले संदेश आनी सुचोवण्यो ‘#VandeMataram150’ ह्या नांवान धाडपाची विनंती केल्ली आनी देशांतल्या लोकांनी हे मोहिमेत वांटो घेतिल्ल्याची खोस ताणी उक्तायली . खेळां मळारय 2025 हें याद उरपासारकें वर्स अशें प्रधानमंत्र्यान म्हणले. भारतीय दादल्यांच्या क्रिकेट पंगडान आयसीसी चॅम्पियन्स ट्रॉफी जिखली. बायलांच्या क्रिकेट पंगडान पयलेच खेपे संवसारीक सर्त जिखली. भारताच्या धुवांनी बायलांचो ब्लाइंड टी-20 विश्वचषक जिखून इतिहास निर्माण केलो अशें मोदी हांणी सांगलें. **Byte**

आधुनीक पद्दतीन पारंपारीक गिन्यानाचो उपेग करून मणिपूरच्या सेनापती जिल्हयांत फुलांचे लागवडीक अर्थीक वाड करपाचें मुखेल साधन केल्ल्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन की बात' ह्या कार्यावळींत चोखोने क्रिचेना हांचे कौतुक केले. 2021 वर्सा चोखोने क्रिचेना हांणी सजावटीच्या फुलांची लागवड आनी विपणन करपाक खाशेलपण आशिल्ली डायन्थे प्रायव्हेट लिमिटेड ही फ्लोरिकल्चर कंपनी सुरू केली. सेनापती जिल्हयांतल्या बायलां शेतकारांकडे सहकार्य करून तिने आयज तिचीं सजावटीची फुलां भारतांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांनी पावयल्यात.

AISPLB 90

ऑल इंडिया शिया पर्सनल लॉ बोर्ड (AISPLB) न बांगलादेशातल्या हिंदू अल्पसंख्याकांचेर केल्या अत्याचारांचो निषेध केल. ताणी म्हणला की, इस्लाम खंयच्याय निष्पाप व्यक्तीची हत्या करपाक मनाय करता आणि धर्माच्या नावाखाला अशे करप्यांनी ते टाळचे. लखनौमधल्या बारा इमाम/बाडा हांगा जाल्या AISPLB च्या वार्षिक अधिवेशनात हो निषेध केलो. या परिषदेत भारतातल्या वेगवेगळ्या राज्यांसयत बांगलादेश आणि नेपाळमधले उलेमा आणि मुस्लिम विद्वान उपस्थित आशिल्ले.

स्पोर्ट्स 30

बायलांच्या क्रिकेटांत तिरुवनंतपुरमांत जाल्ल्या चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकेक 30 धांवड्यांनी हारयले आनी पांच मॅचींच्या मालिकेंत भारतान 4-0 अशी आघाडी घेतली. 222 धांवड्यांचे लक्ष्या गाठताना श्रीलंकेन षटकांत स गडे वगडावन एकशे ekyanav धांवड्यो केल्यो.

वेदर 90

भारतिय  हवामान खात्यान ह्या म्हयन्याच्या 31 तारखे मेरेन हिमाचल प्रदेश, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, उत्तर प्रदेश आनी बिहारांत दाट ते सामके दाट धुकें पडपाचो ओरेंज अलर्ट जारी केला. ईशान्य भारत, उत्तराखंड, उदेंत मध्य प्रदेश, ओडिशा आनी उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगालांत आयज दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, छत्तीसगड, मध्य प्रदेश आनी पंजाबांतल्या कांय वाठारांनी थंड ल्हारांचो अदमास काडला. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आयज उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांत थंड हवामानाची शक्यताय आसा. फुडल्या 2-3 दिसांत अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांत गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास आयएमडीन उक्तायला.

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी गोय तशेच कारवाराक नौदल तळाक भेट दिली. आज राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्था (एनआयटी) जमशेदपूराच्या पंदराव्या दीक्षांत सुवाल्याक हाजीर रावपाची  आसात.
- उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आज पुद्दुचेरीत एक दिसाच्या दौऱ्यार वतले
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  राज्यांक उत्पादनाक प्रोत्साहन दिवपाचे, 'व्यवसाय सुलभतेक' चालना दिवपाचे आणि भारताक जागतिक सेवा क्षेत्रात दिग्गज करपाचे आवाहन केला.
- बायलांच्या क्रिकेटांत तिरुवनंतपुरमांत जाल्ल्या चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान श्रीलंकेक 30 धांवड्यांनी हारयले  आनी पांच मॅचींच्या मालिकेंत भारतान 4-0 अशी आघाडी घेतली

**आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय  खबरो सोपलयो आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका aaykunk मेळतले सांजेच्या स वरा तीस mintaancher नमस्कार**